०१-०६-२०२६

सकाळी: ७.२५

प्रादेशिक खबरो

**मन  कि बात**

सध्या  उश्ण हवामान आशील्यान  देशांतल्या लोकांनी चडांत चड जतनाय घेवची आनी हे संबंदी वेगवेगळ्या सरकारी खात्यांनी जारी केल्ल्या मार्गदर्शक तत्वांक पाळो दिवचो असो  प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी उलो माल्ला.आयज आकाशवाणीच्या मन कि बात  कार्यावळींत त्ये उलाय्तले.

**बालकृष्ण अय्या**

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आपल्या मान की बात कार्यावळींत गोंयच्या निवृत्त शिक्षकाच्या प्रेरणादायक यत्नांचेर भर दिलो, जाच्या निर्धाराक लागून ताच्या मड्डीतळप - काणकोण थळाव्या वाठारांत बऱ्याच काळासावन चलत आयिल्लो उदकाचो प्रस्न सोडोवपाक मदत जाली.

गोंयच्या मड्डीतळप वाठारांत निवृत्त शिक्षक बालकृष्ण अय्या एक समाजीक आव्हान सेवा मिशनांत रुपांतरीत केलें. थळाव्या कुटुंबांक उदकाच्या उणावाक लागून  जावापी त्रास उणो कार्पक काम  करपाचें थारायलें. निवृत्ती वेळार मेळिल्ल्या बचतीचो उपेग करून ताणें पयलीं आपल्या घरा लागसार एक बांय खणली आनी उपरांत मागणी वाडली तेन्ना दुसरी व्हडली बांय बांदली.ताच्या यत्नांक लागून निमाणें एक विस्वासपात्र उदकाचो स्त्रोत मेळ्ळो. एक दशका परस चड काळ गांवचे लोक सरकारी उदकाची जोडणी मेळ मेरेन ह्या उदका पुरवणाचेर आदारून आशिल्ले.आकाशवाणी कडेन उलयतना अय्या हाणी म्हणलें.......... **Byte**

**मुखेलमत्री अय्या**

बाळकृष्ण अय्या हाचो उल्लेख प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी मन की बात कार्यावळीत करप ही गोंया खातीर अभिमानाची गजाल आसा, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांची 134वी मन की बात कार्यावळ आप्न्ये आयकली. गावगिऱ्या वाठारान लेगीत निस्वार्थीपणान सामाजिक कार्य सुरू आसा, हाचे हे उदाहरण आसा. अय्याच्या कार्याची प्रधानमंत्र्यांनी दखल घेवप ही उल्लेखनीय गजाल आसा, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.

पॅट्रोल-डिझल -

सद्या भू-राजकी परिस्थिती आसून लेगित, देशभर पेट्रोल, डिझेल आनी एलपीजीची उपलब्धताय जातली हाची जतनाय इंडियन ऑइल, बीपीसीएल आनी एचपीसीएल ह्या भौशिक क्षेत्रातल्यो तेल विपणन कंपन्यो घेत आसात .ह्या कंपन्यांची टर्मिनल्स, डेपोज, पाइपलाइन्स, सिलेंडरात एलपीजी भरपी प्रकल्प आनी किरकोळ विक्री-केंद्रांवरवी हे साध्य करतात.

घरगुती वापराखातीर एलपीजीची 100 टक्के पुरवण करपाची जतनाय भौशिक क्षेत्रातल्यो तेल विपणन कंपन्यो घेतात, आनी ते नदरेतल्यान तांणी उपाययेवजण्यो लेगित केल्यात तेलशुद्धीकरण उत्पादनात वाढ, तशेच पुरवण व्यवस्थापनात बळगे हाडपाखातीर महत्त्वाच्या क्षेत्रांक प्राधान्य दिवप, हांचो तातूंत आस्पाव आसा. हॉस्पीटलां, शिक्षणसंस्था, वखदानिर्मिती केंद्रा, शेती आनी हेर अत्यावश्यक उद्देगांच्या वेवसायिक एलपीजी पुरवणेक सद्या प्राधान्य दितात.

गोंयांत, दोनूंय जिल्ह्यांनी भौशिक कंपन्यांच्यो किरकोळ विक्री केंद्रांतल्यान जावपी डिझेलच्या विक्रीत सर्वसामान्य कामकाजाक लागून जावपी वाढीच्या तुळेंन 15 टक्क्यांपरस चड वाडीची नोंद जाल्या.

पेट्रोलियम उत्पादनांचो साठो, काळो बाजार, अनधिकृत साठवण, आनी पेट्रोलियम उत्पादनांचो वेगळ्या कारणान जावपी वापर टाळपाखातीर ते विरोधात खरर पावलां

उखलपाचे आवाहन, भारत सरकारान सगळी राज्यां आनी केंद्रशासित प्रदेशांक केला. अधिकृत माध्यमांतल्यान  डिझेल खरेदी करपाचो सल्लो फकत उद्देग-महासंघांक दिला.

भौशीक क्षेत्रांतल्या तेल कंपनींनी पेट्रोल, डिझेल आनी एलपीजीचो फावो तो सांठो उपलब्ध आसा आनी अखंड पुरवण सुनिश्चीत करपा खातीर गरजेचे सगळे उपाय सुरू आसात अशें गिरायकांक आश्वासन दिलां.

**हवामान .**

पणजी वेधशाळेन दिल्ल्ये न्हायती प्रमाण १ जुन ते ६ जुने मेरेन राज्यांत हलको त्ये मध्यम स्वरूपाचो पावस पडपाचो अदमास आसा. 2 आनी 3 जुनाक राज्यांत yello alert जारी केला. आज पणजे चडान  चढ  ३५.4  आनी उन्यान उणे २८.8  जाल्यार मुरगाव चडान  चढ  ३५.  आनी उन्यान उणे २८.3  नोंद केला

आयपीएल

आयपीएल क्रिकेट सर्तीत काल जाल्ल्या निमण्या खेळात रॉयल चॅलेंजर्स बंगळूरु पंगडान गुजरात टायटन्स पंगडाक पाच गड्यांनी हारोवन सेगित दुसरे फावट आयपीएल क्रिकेट सर्तीचे वस्तादपण मेळयले. अहमदाबादातल्या नरेंद्र मोदी स्टेडियमात जाल्ल्या ह्या खेळात पयली फलंदाजी करताना   गुजरात टायटन्स पंगडान रॉयल चॅलेंजर्स बंगळूर पंगडामुखार १५६ धावंड्यांचे मोख दवरील्ले. विराट कोहलीच्या नाबाद ७५ धावंड्याच्या बळाचेर आरसीबी पंगडान १८ शटकात दिल्ले मोख पूराय केले.

ही आसा एक कळोवणी ....

आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या खबरा विभागा वरवी 'वृत्तनिवेदकाच्या पदाखातीर, कराराचेर  पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयल्यात.  उमेदवार पदवीधर ,पिराय 21 ते 50 वर्सां मजगतीं कोंकणी भाशेचें गिन्यान, तशेंच इंग्लीश-कोंकणी आनी कोंकणी- इंग्लीश अणकार करपाचें कसब ,प्रसारणाखातीरयोग्य आवाज जाय. अर्ज करपाची निमणी तारीख 1 जून २०२६ आसा.

अधिक म्हायती खातीर 7020672710 ह्या क्रमांकाचेर वा rnuairpanaji[at]gmail[dot]com ह्या ई-मेलाचेर संपर्क करचो.